# राष्ट्रीय युवा शास्त्रज्ञ पुरस्कार पर्रीकराच्या नावान दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा-मुख्यमंत्री

ता. 13 डिसेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खात्यान एस. झेड. कासिम सभाघर, एनआयओ दोनापवला हांगा आयोजीत मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सव- 2022 च्या चौथ्या आवृत्तीचे उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्याचे आदले मुख्यमंत्री आनी देशाचे आदले संरक्षण मंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंतीनिमतान हो दीस मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सव दीस म्हूण पाळपात येता. विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी नव्यो कल्पना ह्या मळार तांका खुप आवड आशिल्ली आनी सांगपाचे म्हळ्यार हो कार्यक्रम विज्ञान आनी तंत्रज्ञान विभागाचो एक मुखेल कार्यक्रम जाल्लो आसा, जातूंत राज्यभरातले पाच हजार विद्यार्थी सहभागी जातात. ह्या कार्यक्रमाचे सोशल मीडियाचेर लाईव्ह स्ट्रिमिंग जातले जातूंत आंतरराष्ट्रीय मळावयले 17 शास्त्रज्ञ विद्यार्थ्यांकडेन संवाद साधतले. ह्या महोत्सवाक लागून विद्यार्थी आनी शिक्षक वर्गामदी वैज्ञानिक विचार आनी स्वभाव रुजपाक मदत जातली, अशें तांणी सांगलें.

फुडल्या वर्सा सावन मनोहर पर्रीकर हांच्या नावान राष्ट्रीय पांवड्याचेर यंग सायंटिस्ट पुरस्कार दिवपाचो सरकारचो विचार आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार उलयतना सांगलें. मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सव कार्यक्रमाचे यशस्वीपणान आयोजन केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान विज्ञान तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खात्याची तोखणाय केली. विज्ञान तंत्रज्ञान विभागान भारत सरकारावांगडा समजीकाय कबलात केल्ली आसून ताका लागून देशातल्या नामनेच्या शास्त्रज्ञांचो सोध घेवपाक मदत जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री अतानासिओ मोन्सेरात हांणी आपल्या उलोवपात सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांणी राज्यांत विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाच्या मळार नवी तत्त्वां आनी संकल्पनांच्या विकासाच्या मळार मोलादीक योगदान दिले. विद्यार्थ्यांमदी विज्ञानाची आवड निर्माण जावची म्हूण तांचे सतत यत्न आशिल्लें. वैज्ञानिक संशोधनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर विज्ञानाविशीं संबंधित उपक्रमां खातीर शाळांखातीर अनेक येवजणो आनी धोरणांची अंमलवजावणी केली. सरकारान खाजगी अभियांत्रिकी महाविद्यालया मार्फत राज्यांत नवे उपक्रम सुरू करपा खातीर पावला उबारल्यात अशेंय तांणी सांगलें.

मुख्य सचीव श्री पुनीत कुमार गोयल हांणी ह्या महत्सवाचो राज्यातल्या सुमार पाच हजार विद्यार्थ्यांक लाव जातलो अशें सांगून नामनेच्या  शास्त्रज्ञांकडेन संवाद साधपाची संद मेळटली अशें सांगलें.

कोइंब्रा पोर्तुगाल विद्यापीठाचे प्रा. क्रिस्टोफर ब्रेट, इंडियन इन्स्टिटयूट ऑफ सायन्सचे प्राध्यापक प्रा. राघवेंद्र गडकर, आदले  सचिव, महासागर विकास MoES भारत सरकार डॉ. पी.एस. गोयल हे महोत्सवाक मुखेल रिसोर्स पर्सन म्हूण उपस्थित आसात .

डॉ. सिंदुरा गणपती, डॉ. अनिल भारद्वाज, प्रा. तपन कुट्टू, डॉ. आंद्राडे कोलाको, डॉ. पूर्णिमा जिलियान, प्रा. व्ही. कामकोटी, श्री जोस मॅन्युएल नोरोन्हा, GPSC चे अध्यक्ष आनी मनोहर पर्रीकर विज्ञान महोत्सव 2022 चे अध्यक्ष विज्ञान आनी पर्यावरण संचालक श्री. लेव्हिन्सन मार्टिन्स, शास्त्रज्ञ, विज्ञानाचे विद्यार्थी कार्यक्रमात उपस्थित आशिल्लें.

एनआयओचे संचालक डॉ.सुनील सिंग हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. विज्ञान आनी सचीव श्री रमेशकुमार वर्मा हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/783

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji